**महात्मा गांधी जयंती कार्यक्रम**

ता. 1 ऑक्टोबर 2020

राज्य पांवड्यावयलो राष्ट्रपीता महात्मा गांधी जयंती कार्यक्रम फाल्या ता. 2 ऑक्टोबर 2020 दिसा सकाळी 8.00 वरांचेर गांधी चौक, पोरणे गोंय हांगा जातलो. गोंय सरकार आनी पोरणे गोंय ग्रामपंचायतीच्या सहकार्यान आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत महात्मा गांधीजीच्या पुतळ्यात फुलांहार घालून तांच्या उगडासाक गोंयच्या लोकांवतीन आर्गां ओपतले.

केंद्रीय आयुष राज्यमंत्री ( स्वतंत्र प्रभार ) श्री. श्रीपाद य. नाईक, कुंभारजुवा मतदारसंघाचे आमदार श्री. पांडुरंग मडकईकर, मुख्य सचीव श्री. परिमल राय, पोरणे गोंय ग्रामपंचायतीच्यो सरपंच श्रीमती जनिता मडकईकर आनी हेर मानेस्तय महात्मा गांधीजीक पुष्पांजली ओपतले.

ह्या वेळार कला अकादमीचो पंगड भजन सादर करतलो. तशेंच भगवद् गीता, बायबल आनी कुराणाचे वाचन जातले.

उपरांत पोरणे गोंय ग्रामपंचायत सभाघरात जावपी कार्यक्रमात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर मानेस्त लाल बहादूर शास्त्री हांका तांच्या जयंती निमतान आर्गां ओपतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/518

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA